Panaji National News

01.06.2025,,, 6.30pm

## पियुश गोयल

केंद्रीय वाणिज्य आनी उध्येगमंत्री पियुश गोयल आयजसावन फ्रांसाच्या तीन दिसांचे अधिकृत भेटेर गेल्यात.ही भेट भारताच्या मुखेल येरोपीय भागीदारांवागडा धोरणात्मक आनी अर्थीक संबंद घटमूट करपाखातीर तशेंच लवचीक आनी समावेशक जागतीक उदरगतिचो दृश्टिकोण मुखार व्हरपाखातीरच्या वचनबध्दतायेचें पडबींब आसा.फ्रांसाचे भेटेवेळार मंत्री गोयल हे अर्थ मंत्री एरिक लोंमबार्ड आनी फ्रेंच वेपार मंत्री लोरेंट सेंट मार्टिन हांचेसयत फ्रेंच मंत्र्यां वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतले.भारत फ्रांस मजगतच्यी अर्थीक भागीदारी घटमूट करपा हेतान, तेंच प्रमाण वेपारी आनी गुंतवणूकींतलें सहकार्य वाडीक लावपाक नवे मार्ग सोदपाचो हेत बाळगून बसकांनी भासाभास जातली.

## सर्व पक्षीय शिश्ठमंडळ

ओपरेशन सिंदूर खाला भारत सातत्यान करीत आशिल्ल्या यंत्नांचो एक वांटो म्हूण तशेंच आतंकवादा आडच्या भारताच्या तत्वनिश्ठ आनी खर भुमिकेवरवीं  संसद वांगड्यांचो आस्पाव आशिल्ल्या सर्व पक्षीय शिश्ठमंडळ वेगवेगळ्या देशांनीं आपली मोहीम राबयत आसा.संबंधीत शिश्ठमंडळ सगळे तरेच्या दहशतवादाक खंयचेच रितीन सहनशिलताय दाखोवची न्हय असो कडक संदेश दीयत आसात.शशी थरूर हांच्या मुखेलपणा खालचें शिश्ठमंडळ आयज ब्राझीलांत पावलां.विमानतळाचेर चार्ज डी अफेअर्स संदीप कुमार कुजूर हाणी शिश्ठमंडळाक येवकार दिलो.हे भेटेंत शिश्ठमंडळ ब्राझिलाच्या वडील फुडार्यांची आनी संसद वांगड्यांची बसका घेवन तांचेकडेन संवाद सादतले.

## यस.जयशंकर

विदेश वेव्हार मंत्री डा.यस.जयशंकर हाणी आयज नवीं दिल्लींत इरिट्रिया चे समपदस्त उस्मान सालेह हांची भेट घेतली.पहेलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो सालेह हाणी खर निशेध केल्ल्यान मंत्री जयशंकर हाणी तांचे समपदस्त सालेह हांची तोखणाय केली.भेटेवेळार दोगय मंत्र्यांनी दोनय देशां मजगतच्या द्विपक्षीय सहकार्याविशीं खास करुन

भलायकी आनी शिक्षण वाडोवपाचेर भासाभास केली.खेरीज तांचेमदीं प्रादेशीक उदरगती संबंदी विचारांचेंय देणें घेणे जालें.

## यल पी जी मोल

आयजसावन वेवसायीक यल पी जी सिलींडराचें मोल २४ रुपयानी उणे केलां.तेल कंपन्यानी आयजसावन १९ किलोग्रामाच्या वेवसायीक यल पी जी सिलींडराच्या मोलांत २४ रुपया उणे केल्यात.ह्या सिलींडराचें सुदारीत किरकोळ मोल आतां दिल्लींत १७२३रुपया ५० पयशे जालां.घरगुती सिलिंडरांचें मोल मात आदले वरींच उरतलें.ह्या वरसाचे सुरवेक एप्रीलांत घरगुती यल पी जी सिलिंडराच्या मोलांत ४१ रुपया उणे केल्ले.

## फौजदारी न्याय वेवस्थेंत

केंद्र सरकार फौजदारी न्याय वेवस्थेंत फोरेन्सीक पुराव्याचेर आदारीत आशिल्ल्या दृश्टिकोणाक प्राधान्य दिता अशें केंद्रीय घर मंत्री अमीत शहा हाणी म्हळां.कोलकातांत राजारहाटांत नव्या केंद्रीय फोरेन्सीक विदन्यान प्रयोगशाळेचें उक्तावण केल्या उपरांत मंत्री शाह उलयताले.निश्पक्ष आनी अचूक निकालांखातीर विद्न्यानीक पुरावे गरजेचे आशिल्ल्यान देशभरांतली फोरेन्सीक तांक घटमूट करपाखातीर सरकार वचनबध्द आसा अशें ताणी मुखार सांगलें.८८कोटी रुपया खर्च करुन बांदिल्ल्या ह्या अत्याधुनीक सुविधेचो लाव फकत अस्तंत बंगालांतल्या लोकांकच न्हय तर झारखंड,बिहार,ओदिशा सिक्कीम आनी ईशान्य वटेनच्या प्रदेशांतल्या लोकांकय जातलो अशें मंत्री शाह हाणी सांगलें.

## भारत-मंगोलिया

भारत-मंगोलिया हांचो जोड लश्करी सराव नोमेडीक एलिफंटाची धावी आवृत्ती मंगोलियांतल्या उलानबातरांत खाशेल्या दर प्रशिक्षण केंद्रांत सुरू जाल्या.३१ मे तें १३ जूनमेरेन चालू उरपी ह्या सरावांत भारत आनी मंगोलिया मजगतच्या वाडट्या संरक्षण सहकार्यांच्या जायत्या उपक्रमांचो आसपाव आसा.

## निबंद सर्त

आयज सावन सुरु जाल्ल्या देसाच्या ७८ व्या स्वतंत्रतायेच्या दिसानिमतान केंद्र सरकारान तरणाट्यां खातीर साबार सर्तींचें आयोजन केलां.पयली सर्त द्विभाशीक निबंद सर्त घोशीत केल्या.हे निबंद सर्तिचो विशय आसा "ओपरेशन सिंदूर -दहशतवादाआड भारताचें धोरण परतून परीभाशीत करप."सर्तींतल्या पयल्या तीन जैतिवंतांक दरेकी १० हजार रुपयांचीं इनामां मेळटली.तेचपरी,नवी दिल्लींत लाल किल्ल्याचेर जावपी ७८ व्या स्वतंत्रतायेच्या दिसाच्या सुवाळ्यांत वांटेकार जावपाची संद मेळटली.सर्तींत वांटो घेवंक इत्सूक आशिल्ल्यानी माय गोव संकेतथळाकभेट दिंवची अशें कळीत केलां.सर्तीखातीर निबंद ३० जूनमेरेन धाडूंक येता.सरकारान सगळ्या नवोदीत सोशल मिडिया प्रभाविता खातीर आपलें भोवंडेचो व्हिडियो आनी रील तयार करपाक आवाहन केलां.इत्सुकांनी भारतीय स्वतंत्रतायेचीं खंयचीय स्मारकां आनी स्थळांचेर केल्ले भोंवडे संबंदान व्हिडियो आनी रील केल्लें आसूंक जाय.

## क्रिकेट

आयज पी यल क्रिकेट खेळांत सर्तींत आयज दुसर्या क्वालीफायर फेरयेंत मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स पंगडामदी खेळ जातलो.हो खेळ अहमदबादेंतल्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर सांजेच्या साडे सांत वरांचेर खेळयतले .आयच्या खेळांतलो जैतीवंत पंगड मंगळारा अहमदाबादेंत खेळयतल्या फायनलीच्या खेळांत बेंगळुरुच्या रोयल चेलेंजर्स पंगडाआड खेळटलो.

## हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम,मेघालया,नागालेंड,मणीपूर मिझोराम आनी त्रिपुराच्या कांय वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.भारतीय हवामान खात्यान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण दिल्ली सयत हिमाचल प्रदेश,उत्तराखंड,पंजाब,हरीयाणा,आनी चंदिगडांत ४जूनमेरेन वादळ आनी वार्यासयत मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.तेचपरीं विदर्भ छत्तीस गड,ओदिशा,मध्य प्रदेश,बिहार,अस्तंत बंगालांत वादळासयत जोगलां, आनी गडगड मारून पावस पडपाची

शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.केरळ,माहे,कर्नाटक,आनी आंध्र प्रदेशांतय गडगड जोगलां मारून वादळासयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.मात सौराष्ट्रांत आनी कच्छांत नेटाचें वारें व्हावंक शकता अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.